तुयेंच्या हॉस्पिटलाचे उक्तावण

भलायकी सेवा मजबूत करपाक सरकारचे प्राधान्य- मुख्यमंत्री डॉ. सावंत

ता. 2 फेब्रुवारी 2026

गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटला कडेन संलग्न केल्ले आनी उत्तर गोंयच्या पेडणे तालुक्यातल्या आनी सरभोवतणच्या भागातल्या भलायकी सेवांनी भर घालपी सरकारी तुयें हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्राचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचें हस्तुकीं आयज जाले. ह्या हॉस्पिटलाचे उक्तावण जाल्ल्यान लोकांक मेडीसीन, सर्जरी, ऑर्थोपेडिक्स, गायनोकोलॉजी, डेन्टीस्ट्री, ऑपथामॉलोजी, पेडिएट्रीक्स, आयुश, फिजीओथेरेपी, सायकेट्री, ईएनटी, रेडिओलॉजी आनी स्कीन अशां 13 ओपीडी नी दुयेंतीं सेवा मेळपाक आयज सावन सुरवात जाल्या.

लोकांक आवश्यक वैजकीय सेवा उपलब्ध करपा खातीर वयल्या ओपीडी खातीर दोतोरांची नियुक्ती केल्या. फुडल्या कांय म्हयन्यांत ऑपरेशन थिएटर सेवा आनी हेर अतिरिक्त सुविधा सुरू करपात येतल्यो. हे केंद्र फुडारांत भलायकी आनी शिक्षणीक उपक्रमां खातीर उपेगी थारतले, जेणे करून वाठारांतल्या वैजकी सेवांनी वाड जातली.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भौशीक वैजकी सेवांनी वाड करपाक सरकारचे प्राद्यान्य आशिल्ल्याचें सांगून भलायकी क्षेत्रातल्या उत्कृश्ट वावरा खातीर भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांची तोखणाय केली. सरकारान पुराय राज्यांत भलायकी सेवा सुदारपा खातीर काम सुरू केला आनी दोतोरानी लोकांक बरी सेवा दिवपा खातीर प्रयत्न करचे , अशें सांगलें. सरकार लोकांचे कल्याण आनी गोंयच्या एकंदरीत विकासाचेर भर दिता, अशेंय तांणी सांगलें.

उक्तावण कार्यक्रमाक भलायकी मंत्री श्री विश्वजित राणे, आमदार श्री प्रवीण आर्लेकर, आमदार श्री जित आरोलकर, आदले मुख्यमंत्री श्री लक्ष्मीकांत पार्सेकर, तुयेंच्यो सरपंच श्रीमती अनिता साळगावकर, जिल्हा पंचायत सदस्य, अधिकारी आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/94

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.